Panaji Regional 29th June 2025 7.25am

Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 123वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी न्यूजनेअर मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

--------------------------------

Governor

गरीब आनी बेवारस लोकां खातीर जेवणाची सोय करपी संस्था खातीर राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हे राजभवन अन्नदान येवजण सुरू करतले. हे येवजणे खातीर राज्यपाल आपलो स्वता:चो निधी दितले. केरळाचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांचे हस्तुकी आज ह्या येवजणेचे उक्तावण जातलें.

आज सकाळीं राजभवन पोरण्या दरबार हॉलात राजभवन अन्नदान येवजणेचो शुभारंभ जातलो. जे मानधन राज्यपालान बरयल्ले पुस्तकांतल्यान आयल्यात त्या मानधनाचो वापर हे येवजणे खातीर करतले. राज्यपाल पिल्लय कार्यवळीचे अध्यक्षस्थानार आसतले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी धनादेशाचें वांटप जातले. उपरांत राजेंद्र आर्लेकार हांचे हस्तुकी राजभवन अन्नदान येवजणेचें उक्तावण जातलें. हे येवजणे खाला स्ट्रीट प्रोव्हीडन्स हे संस्थेक पयलो धनादेश केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकार हांचे हस्तुकी भेटयतले.

--------------------------------

मुखेलमंत्री

खाजगी वाठारांत  काम करपी बायलांक बस तिकीटीचेर 50 टक्के सवलत दिवपाच्या प्रस्तावाचेर गोंय सरकार विचार करता अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिली. दिसपट्टो येरादारीचो खर्च उणो करून खाजगी क्षेत्रांत नोकरी करपाक चड बायलांक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान हो प्रस्ताव विचाराधान आसा अशें तांणी सांगलें. साकळे रवींद्र भवनात आयोजित  म्हजी बस येवजण 2025 & इंधन अनुदान वितरण सुवाळ्यांत ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

 ह्यावेळार येरादारी मंत्री माविन गुदिन्हो, कंदब म्हामंडलाचे अध्यक्ष उल्हास नायक तुयेकार, येरादारी खात्याचे सचिव संजय गोंयल तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या फुडे डीजीटल माध्यमाचो उपेग करुन  प्रवासी बसीची तिकीट दींवक शकतले. म्हजी बस येवजणेवरवी भैशिक येरादारी सेवा सुटसुटीत जातली, तशेंच  खाजगी गाडयाचो   उपेग उणो जातलो अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हळा. खासगी बस मालकांनी म्हजी बस येवजणेचो लाव घेतलो जाल्यार तांका नवी बस घेवपाक १० लाख रुपयाची मजत सरकार दितले. हे  शिवाय इंधन सवलत सरकार दितले. खासगी बसी आनी कदंबा म्हामंडळाच्या जोडपालवान प्रवाशांक बरी भौशिक येरादारी सुविदा दिवपाच्या  हेतान सरकार काम करता अशें मुखेलमंत्त्र्यान ह्या वेळार म्हणला.

--------------------------------

नशामुक्ती कार्यावळ cm

तंबाखु, चरस, गांजा, सिगरेट, सोरो ही व्यसना भलायकी इबाडपी तशेचं जीवाक धोको तयार करपी व्यसना, ताका लागुन ह्या व्यसनापासत स्वतक पयस दवरप महत्वाचे अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. तशेंच अंधश्रध्देचेर  विस्वास दवरुन बाबा- बुवांकडे वचच्या परस अशे व्यसन आसत जाल्यात दोतोराकडे वचुन उपचार घेवन ते सोडवचे अशे आवाहन ह्यावेलार मुखेलमंत्र्यान केला.

गोंय भलायकी खात्यावतीन काल  साखळे  साई नर्सिंग संस्थेच्या सभाघरात नशामुक्ती कार्यावळ आयोजित केल्ली. त्यावेळार ते मुखेल सोयरे  म्हण उलयताले. ह्यावेळार  दोतोर  राजेश धुमे, दोतोर  अतुल पै वीर, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर

आशिल्ले.ह्या वेळार हाजीर आशिल्लाय दोतोरांनी नशामुक्ती कशी करु येता हे विंशी सभाघरात हाजीर आशिल्लया मनशांक मार्गदर्शन केले. नशेपासत पायस रावात , स्वतची भलायकी घटमुट दवरात असो सल्लो दोतोरांनी ह्यावेळार दिला.

--------------------------------

Rohan

गोंय सरकाराच्या म्हायती तंत्रज्ञान, इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी संचारण खात्यान ग्रामीण मित्र येवजणे वरवीं गोंयच्या गावगिऱ्या वाठारातल्या २५ हजार नागरीकामेरेन गोंय सारकारच्यो सुविधा, सवलती, तशेंच येवजण्यो पावयल्यात .गरजेच्यो भौशीक सेवा थेट नागरिकांच्या घरांत पावपाक लागल्यात. ह्या उपक्रमाक लागून ज्येश्ठ नागरिकांक, बायलांक, विद्याथ्यांक येरादारीच्या त्रासा बगर म्हत्वाचे कागदपत्र मेळोवप आनी सरकारी येवजण्यांचे अर्ज मेळोवन ते सादर करपाक सोंपें जालां.

पयसुल्ल्या आनी गांवगिऱ्या वाठारांनी लक्ष केंद्रीत करून ग्रामीण मित्र येवजणे गांवगिऱ्या गोंयांतल्या समाजीक आनी अर्थीक उदरगतींत डिजिटल माध्यमाच्य नदरेतल्यान महत्वाचे योगदान दिता शे आयटी खात्याचे मंत्री रोहन कंवटे हांणी म्हणला.

--------------------------------

Weather

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडात चड तापमान 32 डिग्रीस celcius आनि उण्यांत उणे तापमान 26 डिग्रीस celcius इतले आसतले.

--------------------------------

Cricket

बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं नॉटिंघमांत जाल्ले पांच मॅचींचे टी-20 क्रिकेट माळेचे पयले मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 97 धांवड्यांनी हारयलो. पयली फलंदाजी करून भारतान निर्धारित वीस ओव्हरींनी पांच विकेटी वगडावन 210 धांवड्यो केल्यो. स्मृती मंधानान 62 बॉलांनी 112 धांवड्यो करून परजळीत खेळी केली.

--------------------------------